Aakashwani Panaji 2 February 2025 , 7.25 am

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सादर केल्ल्या अर्थसंकल्पांत 12 लाख रुपया मेरेन उत्पन्न आशिल्ल्या व्यक्तींक आयकरांतल्यान सुट मेळपाची घोशणा केल्या. हाका लागून मध्यमवर्ग सशक्त जातलो. हाका लागून चड बचत जातली आनी गुंतवणूक वाडटली. सशक्त मध्यमवर्ग म्हणल्यार सशक्त भारत अशी प्रतिक्रिया मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सादर केल्ल्या विकसीत भारत 2025 अर्थसंकल्पाक हांव पुराय मनान येवकार दितां अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. ह्या अर्थसंकल्पांत विकसीत भारताच्या चार विभागा खाला बायलां सशक्तीकरण, तरणाट्यांचें सशक्तीकरण, अन्न सुरक्षा आनी गरीब कल्याण साध्य करपा खातीर धा उदरगत उपायांची रुपरेखा दिल्या. आमच्या सामुहीक यत्नांक लागून भारताक विकसीत भारत 2047 च्या दृश्टीकोना कडेन व्हरतले, अशी आस्त मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी उक्तायली.

---

गोवा शिक्षण विकास महामंडळान २०२३-२४ आणि २०२५ या शैक्षणिक वर्षाखातीर संत सोहिरोबानाथ आंबिये ज्ञानवृद्धौ शिष्यवृत्ती " चो लाभ घेवपाक विद्यार्थ्यांकडच्यान अर्ज मागयल्यात. या योजनेअंतर्गत ज्यांचे कौटुंबिक उत्पन्न लाखांपेक्षा कमी आसा आणि राज्यातली शैक्षणिक संस्थांत शिक्षण घेत आशिल्या गरजू विद्यार्थ्यांक रुपये ४०,०००/-पर्यंतचे अनुदान दितले. एसएससी उपरांतचे अभ्यासक्रम, उच्च माध्यमिक उपरांतचो पदवी अभ्यासक्रम आणि ग्रॅज्युएशन उपरांतचो पीजी अभ्यासक्रम हाका योजनेअंतर्गत अर्ज करू शकतात. या योजनेअंतर्गत सूचीबद्ध केल्या पात्रता निकषांची पूर्तता केले उमेदवार योजनेक पात्र आसात. सरकारच्या या योजनेचा लाभ९ फेब्रुवार ते १७ मार्चपर्यंत घेवपाक मेळटलो इच्छुक निडसार जोशी, बेदाणे हेरा, अ लाभ घेवचो असे आवाहन केला.

---

पर्यावरण आनी कायदो मंत्री ॲलेक्स हांणी नुवे मतदारसंघांतल्या भाड्याच्या लोकांची तपासणी चड खर करपाचों आदेश दिला. सेक्वेरा पुलिसांक दिला. जिल्होधिकारी कार्यालयांत लोकांच्यो कागाळी आयकुपाक पावलकच ताका मडगांव स्टेशनांतले पुलीस अधिकारी मेळ्ळे तेन्ना ताणी हो आदेश दिलो.

पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी सांगलें, फकत चवकशीच न्हहय तर ड्रग्साचो वेपारूय पातळ्ळा ताका आंडावपाक पुलिसांक सागला. हो प्रस्न गुंतागुंतीचो जायत आसा अर्थ सांगून मडगाव नगरपालिकेच्या अधिकाऱ्यांकडे या संदर्भात उलयतालो अशें मंत्री सेक्वेरी हॉणी सांगले.

---

साहित्य मळार जयवंत दलवीचे योगदान उल्लेखनीय जाला आनी गोंयांत जल्मल्ल्या दलवीक गोय आनी ताच्या नुस्त्या विशी तितलोच म्हत्वाचो मोग आशिल्लो अशे आदले मुख्यमंत्री आनी मार्यावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी आयोजीत केल्ल्या तीन दिसांच्या महोत्सवाचें उक्तावण करतना सांगलें शुकारा म्हालगडे लेखक जयवंत दलवी हाच्या जल्म शतमानाच्या निमतान सृजन उलयताले. कला आनी संस्कृती खात्याच्या सहकारात ही कार्यावळ आयोजीत केल्ली. हया संदर्भार वरिश्ठ पत्रकार विजय कुवालेकर, वरिश्ठ लेखक सुरेश खरे, जयवंत दलवीचो पूत गिरीश दलवी, लोकमान्य सोसायटीचे कुमार प्रियोलकर, पत्रकार सागर जावडेकर, सृजन संवादाचे अध्यक्ष अनूप प्रियोळकर, सचीव ॲड. सुरेल तिलवे आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

---

तिळारीच्या कालव्याक १० मीटर लांब आणि तीन मीटर रुंद पडलेले भगदाड बुजयला कालव्याखाला आशिल्ली पाईप खचल्यान हे भगदाड पडिल्ले. थयचो पोरणो पाईप काढून ताचेखाला कॉंक्रिट घाले. ताचेर पाईप बसय ल्या उपरांत ताचेर परत कॉंकिट घाले. आता शंभर ट्रक भराव घालपाचे काम जाला. उदकास्त्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकर यांनी केल्या सूचने प्रमाण त्या भरावार कॉंक्रिट घालतले हे काम आज राती पर्यंत करपाचे लक्ष्य महाराष्ट्राच्या उदका संपदा खात्या नदवरला', या नियोजना प्रमाण काम झाले तर तिळारी जलसिंचन प्रकल्पातल्यान गोयाक उदक येवपाक शकतले पर्वरीत सगळ्यांक किमान उदक सेळटलैं अशी व्यवस्था केल्या, उंचायेवल्या इमारतीक फाव त्या दावान उदका पुरवठा जायता काय भागांत दिसाआड उदक दिवचे पडता ओ कीकेरो चौक आणि पीडीए कॉलनी होगा उदक साठवणुकीची व्यवस्था आसा.